**नाविकांक कळोवणी**

**मांडवी, जुवारी, शापोरा, तेरेखोल न्हंयत उदका तपासणी**

ता. 9 मे 2025

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन चालू मे म्हयन्यात न्हंयांच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो. 14 मे दिसा मांडवी न्हंयत नुस्तेमारी जेटी पणजी, 15 मे दिसा जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत आनी शापोरा न्हंयत कोलवाळ-धारगळ पुलाच्या वयले वटेनच्या वाठारांत आनी 16 मे दिसा तेरेखोल न्हंयत केरी हांगा आरोंदा पुलासकयल्या वटेनच्या वाठारांत न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर वयल्या न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जीं, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसांनी खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/472

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.